Akashwani Panaji

Regional news

7.20 pm 20th March 2026

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी ईद-उल-फित्र सणाच्या शुभ पूर्व सांजेर गोंयच्या समेस्त लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्यात. ईद-उल-फित्र सणान रमजानचो पवित्र म्हयनो म्हणजे प्रार्थना, चिंतन, आनी दया हे काशेले गुणधर्म आसपवित जाता . हो खुशालकायेचो सण, भावार्थ, उपकार आनी एकचाराचो उत्सव महूनून मनयतात . महम्मद पैगम्बरानी समाजाक दिल्ल्या शांतीकाय, दया आनी एकवटाच्या शिकवणीचो उगडास करपाची ही परब .ह्या पवित्र सणाच्या प्रसंगार समाजाच्या सगळयां घटकांमदी सलोखो, भावपण आनी एकजूटीचे नाते घटमुट जांव. हो पवित्र सण दर एकल्याच्या जीणेत शांतीकाय, समृध्दी आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपालानी आपल्या संदेशांत म्हणला.

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लीम समाजातल्या भाव भय्ण्यांक ईद-उल-फित्र सणाची परबीं भेटयल्या आनी हो सण दर एकल्याच्या जीणेत शांतीकाय, समृध्दी आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें मागला. ईद-उल-फित्र सणान पवित्र रमाजान म्हयनो सोपता. रमजान म्हयन्यात मुसलमान भांव रोझा पाळटात आनी नेमान प्रार्थना करतात.ईद-उल-फित्र सणाच्या शुभ प्रसंगार आमी सगळयांनी सलोखो राखून आनी मानवी मुल्यांचो आदर करून राज्याच्या विकासा खातीर काम करूया अशी मागणी मुखेलमंत्री dr प्रमोद सावंत हाणी आपल्या संदेशांत म्हणला.

आयज जागभरान्त संवसरीक संवण्यांचो दिस मनयतात. सवण्यांचा उणया जालल्या आकड्या विशी जागृताय करपाखतिर दर वर्सा 20 मारचाक हो दिस मनयतात. 2010 वर्स natural forever society of india आनी ecosystem action foundation ह्यांच्या जोडपालवान हो दिस मनोवपक सुरू केललो. सवणी ही दिसपक खुब लहान आसली तरी पर्यावरणाच्या नंदरेवटल्यान ती व्हाड महत्वाची भूमिका करतात. नेटन वाडपी शरीकरण , प्रदूषण , आशा वेगवेगळया करणक लागून ह्या सवण्यांचो आकडो दिसान दिस उनो जायत चलला.

मुखेलमंत्री  डॉ. प्रमोद सावंत हांचेर काल बिरेस्तारा पुण्यांतल्या रुबी हॉल क्लिनिक हॉस्पिटलांत भलायके विशी चाचण्यो जाल्यो . छातयेंत दुखपाक लागिल्ल्यान तांकां हॉस्पिटलांत दाखल केल्ले. तांची भलायकी सध्या स्थिर आसा अशें सल्लागार अली दारुवाला हाणी सांगले. फाल्या वा परवा आयतारा मुखेलमंत्री गोयांत येतले, अशी माहिती ताणी दिली . बिरेस्तारा छातयेंत दुखपाक लागिल्ल्यान तांकां हॉस्पिटलांत दाखल केल्ले.  बिरेस्तारा, 19 मार्चाक तांका  पुण्यांतल्या हॉस्पिटलांत दाखल केले उपरांत तांचेर उपचार जाले.  मुखेलमंत्र्यांक निरीक्षणा खाला दवरलयात   आनी तांची भलायकी सध्या स्थीर आसा अशी म्हायती मेळया. ही एक नेमीत  भलायकी तपासणी आशिल्ली.

आयज २० मार्चाक संवसारीक oral health दिसा निमतान , बांबोळेततल्या गोंय डेंटल कॉलेज आनी हॉस्पिटलांत साबार   कार्यावळी जाल्यो . Indian Society of Periodontologyच्या सहकार्यान दंतचिकित्सा खात्यान आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यावळींत दातांचे रोग आडावप आनी तोंडाची नितळसाण सांबाळपाचेर भर दिल्लो.500 वयर दुयेंतींची दंतपरिक्षेची तपासणी जाली, तांचो परिणाम खाशेल्या अर्जांतल्यान नोंद जालो. डॉ.संदीप लवंदे  हांणी समन्वयीत केल्ल्या ह्या कार्यावळींत परस्पर संवादात्मक जागृताय सत्रां, टूथब्रशिंग प्रदर्शनां, आनी फुकट टूथपेस्ट नमुन्यांची वितरण करपाची वेवस्था केलली . ह्या यत्नांनी समाजा भितर दुयेंतींची प्रेरणा आनी निदानात्मक प्रसार वाडोवपाचो हेतू आशिल्लो.

दाबोळी हांगाच्या 328 फ्लॅटांच्या  रेसिडेन्सी कॉम्प्लेक्सांत अतिसार, ओकारी आनी जोराची लागवण जाल्ली. आता ही परिस्थिती नियंत्रणांत आसा अशी माहिती दक्षिण गोयच्यो जिल्हाधिकारी एग्ना क्लिटस हाणी दिली. आज मडगाव हांगा प्रसार माध्यमांकडेन उलयताना भलायकी खातें, प्रदुशण नियंत्रण म्हामंडळ आनी पिवपाचें उदक खातें सगले तरेची जतनाय घेतात. ह्या रेसिडेन्सी कॉम्प्लेक्सांतल्या एकशे छापपन  जाणांक अतिसार, उलटी आनी जोराची लागण जाल्या तरी सगळयांचेर योग्य उपचार जाल्यात. बिरेस्तारा 18 मार्चाक फक्त दोन दुयेंती सांपडले जाल्यार आयतारा एकूय दुयेंती मेळूंक ना अशी माहिती ताणी आयज  पत्रकारांक दिली. ह्या रेसिडेन्सी कॉम्प्लेक्साक पिवपाचें उदक आनी मिनरल उदका पुरवण करपाचो आदेश पीडब्ल्यूडीक दिला. तेच प्रमाण ह्या रेसिडेन्सी कॉम्प्लेक्साचे उदका पुरवण जोडणी रोखडीच काडून उडोवपाचे आदेश तालुक्याच्या मामलेदारांक दिल्यात अशे ताणी सांगले.अशुध्द आनी

शुध्द केल्ल्या उदकाची भरसण जाल्ल्यान लोकांची भलायकी इबाडली अशी म्हायती तांणी दिली. संकुलांतलें पिवपाचें उदक, जलतरण तळांतलें उदक, उदकाच्यो टांकयो, बाग, बोर वेल हांची चांचणी सुरू आसा अशें तांणी सांगलें. सांडपाणी शुध्दीकरण प्लांट आनी बागेंतल्या बोर वेलांतले उदकाचे नमुने पॉझिटिव्ह मेळळे, जाल्यार हेर सुवातींचे नमुने निगेटिव्ह मेळळे अशी म्हायती तांणी दिली.

लोकांनी सादूर रावचें आनी भलायकी इबाडली जाल्यार बेगोबेग प्राथमीक भलायकी केंद्रा कडेन संपर्क सादचो अशें आवाहन तांणी केलां.

दाबोळे अतिसार दुयेंस  परिस्थितीचेर उपाय काडपा खातीर बेगीन आनी प्रतिसाद यंत्रणा सुरू केला,ह्या दुयेसाच्या फाटभूयेर भलायकी संचालनालयान खासा दोतोरांचो तशेंच भलायकी अधिकाऱ्यांचो पंगड स्थापन केला. हे वीशी भौशिक बांधकाम खाते हाचेकडेन समन्वय सादुन दाबोळी वाठारातली दुषित  उदकाच्या यंत्रणैचो नियाळ घेवपाक  यत्न केला  अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिली. दाबोळी वाडट्या अतिसाराच्या दुयेसाच्या फाटभुयेर मंत्री राणे हांणी भलायकी अधिका़्यांनी घरां घरांत पळोवणी केल्या, उदका स्त्रोत आनी भोंवतणच्या वाठारांची तपासणी केल्या, उदक तापोवन  पियेवपा सयत गरजेच्या जतनाय घेवपा विशीं थंयच्या रहिवाशांचेर जागृताय सत्रां केल्यांत अशे तांनी सांगले .

गोंय शालांत मंडळान 10 फेब्रुवारी ते 27 फेब्रुवारी मजगतीं घेतिल्ले यत्ता बारावेचे परिक्षेचो निकाल शेनवारा 21 मार्चाक सांजेच्या 5 वरांचेर जाहीर जातलो. ही परिक्षा 20 केंद्रांचेर जाल्ली. कला, वाणीज्य, विज्ञान आनी वेवसायीक फांट्यांन मेळून सत्रा हजार दोनशे त्रयायशी विद्यार्थ्यांनी ही परिक्षा दिल्ली.पर्वरिच्या गोंय शालांत मंडळ इमारतींतल्या परिशद घरांत सांजेच्या 5 वरांचेर पत्रकार परिशदेंत निकाल जाहीर जातलो. सगळया विद्यालयांक तांच्या लॉगिनाचेर 25 मार्च उपरांत एकवटीत निकाल उपलब्ध जातलो. अंदूं कला फांट्यांत 4110 हातूत 1260 चले , 2850 चलयो), वाणीज्य फांट्यांत 5313 विज्ञान फांट्यांत 5428 आनी वेवसायीक फांट्यांत  विद्यार्थ्यांनी परिक्षा दिल्या.

वंदे मातरम् राष्ट्रीय गीताचे 150 वे वर्स मनोवपाच्या कार्यावळीचो विशेंश पांवडो 23 ते 30 मार्च 2026 मेरेन आसा आनी ह्या काळांत आयोजीत करपात येवपी कार्यक्रमांचो "शहीद दिवस" हो केंद्रबिंदू आसतलो. ह्या पांवड्याच्या काळांत आयोजीत करपात येवपी कार्यक्रमांनी खास करून वंदे मातरम् गीताचो इतिहास आनी दायजाकडेन संबंदीत भारतीय स्वातंत्र्य चळवळींतले म्हान स्वातंत्र्य सैनिकांचेर भर दितले. तशेंच केंद्रीय घर मंत्रालयान जारी केल्ल्या नव्या नेमावळी प्रमाण ह्या सप्तकात भौशीक कार्यक्रम, शिक्षणीक संस्थां, सरकारी शाळां आनी हेर थळांचेर आयोजीत कार्यक्रमांनी वंदे मातरम् राष्ट्रीयगीताचे सगळें स कडवीं वाजोवप आनी गावप सक्तीचें करतले .

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान ३3 .8 अंश celcius आसतले जलयार किमान तापमान 22 अंश celcius आसतले.

बांबर nanodya क्रिकेट cluba वतीन आयोजित केलल्या 40 व्या राज्यस्तरीय सीजन बॉल क्रिकेट सरतींत सरकार 11 कुडचडे ह्या संघ जैतीवत जाले